26.02.2026 प्रादेशिक खबरो

1 आयुश्यात वेगवेगळी आव्हाना येतात,त्या आव्हानांक कांय त्यागुय करचो पडटा ,अशे नामनेचे वेवसायिक,adventurer, लेखक,designer,तशेच फोटोग्राफर आदीत्य गुप्ता हांणी म्हणला

2 आयज पुराय देशभरासयत गोयातूय महाशिवरातीची परब व्हडा भक्तीभावान आनी उरबेन मनयली

3 गोंयांत कुशळटाय विकास केंद्र स्थापन करपा खातीर आय एच सी एल आनी गोंय सरकारा मदीं आयज मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांच्या हाजिरेंत समजिकायेच्या कबलातीचेर सय जाली.

4 सरकारी नोकऱ्यांनी लिखीत कोंकणी सक्तीची केल्ल्यान गोयकारांक नोकरी मेळप सोपे जातले अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणला

रश्मि 110

ध्येय मेळोवपाक जाय जाल्यार सकारात्मक इत्साशक्ती आसपाक जाय.एकदा तुम्ही तुमचे ध्येय थारायले काय धाडस,जिद्द,आनी ध्येया प्रती एकनिश्ठता आसप महत्वाचे.आयुश्यात वेगवेगळी आव्हाना येतात,त्या आव्हानांक कांय त्यागुय करचो पडटा ,ताका लागुन comfort zone तल्यान भायर सरून ध्येय मेळोवची इत्सा तुमचेकडे आसपाक जाय अशे नामनेचे वेवसायिक,adventurer, लेखक,designer,तशेच फोटोग्राफर आदीत्य गुप्ता हांणी म्हणला.ते एवरेस्टा चढटाना अणभवातल्यान प्रत्यय आयील्ले सात धडे ह्या विशयाचेर 14 व्या डी.डी कोसंबी विचार महोत्सवात उलयताले .

खंयचीच गजाल shortcut मारून मेळना,ध्येय गाठपाक कश्ट घेवचच पडटा आनी mt. everest चडटाना ह्या बाबीचो अणभव म्हाका प्रत्यक्ष आयलो.सगळेच तुम्ही कूल्या plan प्रमाण जावपाकुच जाय अशे जांवक शकना ताका लागुन जी परीस्थीती तुमच्या मुखार येता ताका झुज दीवन जीणेत मुखार सरप महत्वाचे अशे गुप्ता हांणी ह्यावेळार म्हणला.

सुशांत 140

आयज पुराय देशभरासयत गोयातूय महाशिवरातीची परब व्हडा भक्तीभावान आनी उरबेन मनयली. फातोर्डा हांगाच्या श्री दामोदर लिंग देवळात सुमार आठ ते धा हजार भक्तांची दीसभर देवाचें दर्शनाक रांक लागीली तर आठशें लोकांक वैयक्तीक रितीन अभिषेक करपाक

मेळ्ळो. श्री दामोदर लिंग देवस्थान समितीचे अध्यक्ष अमरीश नायक हांणी सांगलें की फाटलीं 48 वर्सां हांगा महाशिवरात्र मनयतात. भक्तांचो आनी अभिषेक करप्याचो आंकडो दर वर्सा वाडत वता. दनपारां मेरेन सुमार 500 लोकांचो जाल्लो आंकडो सुमार 800 मेरेन पावपाचो अदमास आसा अशें तांणी सांगलें. फाटल्या वर्सा सयशीं लोकांनी अभिषेक केल्लो. फांतोडेर सकाळी अभिषेक सकाळीं 4 वरांचेर सुरू जाता अशेंय तांणी सांगलें. दक्षिण गोंयांतल्या वेगवेगळ्या सुवातींनी महाशिवरात्रेचो उत्सव जालो. पर्वत-पारोडा हांगाच्या चंद्रेश्वर भूतनाथ देवस्थान, जांबावलेचे श्री रामनाथ दामादर देवस्थान, काकोडेचे श्री म्हादेव देवस्थान, रामनाथीचे श्री रामनाथ देवस्थान, मंगेशीचे श्री मंगेश देवस्थान, नागेशीचे श्री नागेश देवस्थान ह्या देवळांनी महाशिवरात्रेचो उत्सव मनयलो. रामनाथी हांगा ह्या उत्सवाक जोडून जात्रा सुरु जाल्ली असून फुडले चार दीस ही जात्रा चालू असतली.

राजेश

दिवचल तालुक्यात महाशिवरात्री उत्सव आयज व्हडा उमेदीन धार्मिक आनि सांस्कृतिक कार्यवळीनी जालो मुखेल कार्यावळ हरवळे हांगसर श्री रुद्रेश्वर देवस्थानात जाली. यानिमित्तान फातोडच्या तीन वारसा सावन सांजे मेरेन अभिषेक करपाची संद भाविकांक मेळ्ळी .महाशिवरात्रीच्या निमित्तान हरवळच्या श्री रुद्रेश्वर देवस्थानात आयज सकाळसावन धार्मिक तसेच सांस्कृतिक कार्यावळींचे आयोजन जालें. हातूंत महाप्रसाद ,अभिषेक, पालखी उत्सव पावणी या कार्यावळींचो आसपाव आसलो .हरवळे प्रमाण दिवचल म्हालात सप्तकोटेश्वर देवस्थान नार्वे दिवचल, सर्वण,मुळगाव ,कारापूर, विर्डी ,अमोणा, नावेली, कुडणे ,साखळी तशेच सत्तरी म्हालांतलें विंगड विंगड भागानी महाशिवरात्रीच्या निमित्त तरेकवाळ कार्यावळी आयोजित केल्यो.

प्रसाद 65

फोंडा तालुक्याच्या वेगवेगळ्या वाठारांनी महाशिवरात्रि उत्सव अभिषेक महापूजा, महाआरती आनी धार्मिक विधींनी व्हड उमेदीन मनयलो. बोरीच्या नामनेच्या सिध्दनाथ पर्वताचेर सकाळीं फातोडेचेर शिवपिंडीक अभिषेक ,धर्मीक विधी पुराय जाले. तशेंच शिरोडेच्या कामाक्षी देवळात जात्रेक सुरूवात जल्या. धवळी फोंडातलें कमलेश्वर, बोरीचें संजेश्वर नागेश महारुद्र ळ आनी फोंडाचें कपिलेश्वर देवूळ, गोविंद नाथ मंदिर, बेतोडाचें महादेव तांबडी सुरलाचें महादेव देवूळ आनी हेर देवळांनी तीर्थ महा आरती आनी महाप्रसाद जाले .

सुभाष

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी आयज महाशिवरात्रिच्या शुभ प्रसंगा निमतान देशांतल्या लोकांक हार्दिक परबीं दिली. सोशल मिडिया पोस्टांत राष्ट्रपती हांणी परमदेव महादेवाचो आशीर्वाद सगळ्या नागरिकांचेर ऊरु आनी भारत प्रगतीच्या मार्गान मुखार वचत रावचें अशें मागणें केलें. उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर हांणी आयज महाशिवरात्रिच्या शुभ प्रसंगा निमतान देशांतल्या लोकांक परबीं दिली. सोशल मिडिया पोस्टांत धनखर शेअर हांणी केला की हो पवित्र उत्सव आत्मनिरीक्षण आनी आध्यात्मिक जागृताय हांचे प्रतीक आसा, नागरिकांक गिन्यान, संयम, आनी करुणेचो मार्गार चलपाक प्रेरणा दिता. शिवाची कृपा पुराय विश्वाचेर उरची आनी ताच्या आशीर्वादान भारत प्रगती आनी समृध्दीच्या मार्गाचेर मुखार वचत रावचें अशी इत्सा उपराष्ट्रपती हांणी उक्तायली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज महाशिवरात्रि निमतान देशांतल्या नागरिकांक शुभेच्छा दिली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत शिवाक समर्पीत केल्लो हो दिव्य प्रसंग नागरीकांक सुख, समृध्दी आनी बरी दितलो  अशी प्रार्थना केली. हो महोत्सव विकसीत भारताचो संकल्पय घटमूट करता असो आशावाद मोदी हांणी व्यक्त केला.

पीटीआय 90

गोंयांत कुशळटाय विकास केंद्र स्थापन करपा खातीर आय एच सी एल आनी गोंय सरकारा मदीं आयज मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत  हांच्या हाजिरेंत पणजेच्या महालक्ष्मी निवास स्थानात समजिकायेच्या कबलातीचेर सय जाली. गोंय सरकारान ताज गटा वांगडा आग्वाद  किल्ल्यांत कुशळटाय विकास केंद्र उबारपा खातीर इंडियन हॉटेल कंपनी लिमिटेड, ताज ग्रुपा कडेन समजिकायेच्या कबलातीचेर सय केल्या. खाजगी आयटीआय स्थापन करपा खातीर समजिकायेच्या कबलातीचेर मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत, शिक्षण सचीव प्रसाद लोलायेकर, , आय एच सी एलाचे सी ई ओ आय ए एस पुनीत छतवाल आनी कुशळटाय विकास आनी उद्देजकता संचालक एस. एस. गावकार हाच्या हाजिरेंत ही कबलात जाली.

आय एमडी 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आज कमाल तापमान 36.5 डिगरि सेल्सियस तर किमान तापमान 22.3 डिगरि सेल्सियस आशील्ले.पुराय राज्यात वातावरण सुके असतले आनी खासा शिटकावणी ना. सकाळी माध्यम ते दाट धुके  पातळू  येता

डेस्क सावंत 130

गोंयांत स्थलांतरितांचो आंकडो वाडत आसा. ताका लागून मूळ गोंयकारांक रोजगारांत संद मेळची म्हण सरकारान कांय निर्णय घेतल्यात. सरकारी नोकऱ्यांनी लिखीत कोंकणी सक्तीची केल्ल्यान गोयकारांक नोकरी मेळप सोपे जातले . पूण गोंयांत मराठीची व्हड परंपरा आसा आनी मराठींतल्यान शिकपी लोकांचेर कसलोच अन्याय जावंक दिवचों ना अशें आश्वासन मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिले. रवींद्र भवन साखळे आयोजीत गोवा मराठी अकादेमीच्या सृजन संगम युवा महोत्सवात उक्तावण सुवाळ्यांत ते उलयताले. ह्या वेळार परेश वासुदेव प्रभु हांणी बरयल्लें "गोमंतकाचा आत्मस्वर-मराठी" ह्या पुस्तकाचें प्रकाशन जालें. कोंकणी राजभास आनी मराठी गोंयची सहभास आसा. तेन्ना मराठीचेर कसलोच अन्याय जावचों ना अशें आश्वासनूय डॉ. सावंत हांणी दिले. गोवा मराठी अकादेमीचे अध्यक्ष अनिल सामंत हांणी येवकार दिलो.. गोंयचे तरणाटे पिळगेन मराठीची जतनाय घेवची आनी प्रचारात योगदान दिवचे असो उलो ताणी मारलो. विठ्ठल शेळके आनी शुभदा चारी हाणी सूत्रसंचालन केले.

सावरकर 35

व्हड क्रांतीकारी स्वातंत्र्यसेनानी वीर सावरकर हांच्या पुण्यतिथी दिसा प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज तांका श्रद्धांजली ओपली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत. स्वातंत्र्य चळवळींत त्याग, धैर्य आनी संघर्शान भरिल्लें वीर सावरकराचें अमूल्य योगदान देश केन्नाच विसरचो ना अशें मोदी हांणी सांगलें.